Panaji Regional

29th July 2025 7.25am

रश्मी 180

गोंयच्या न्हंयांचो अभ्यास केल्या पळोवणेत हांग सोलर हायब्रीड फेरीबोट सेवा सुरु करप समा जायना असो बंदर कप्तन खात्याचो अहवाल आसतना लेगीत न्हंय येरादारी खात्यान सुमार चार कोटी रुपया खर्च करुन पर्वरी- बेती रुटार ही फेरीबोट कित्याक हाडली असो प्रस्न विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी विचारुन सरकाराक धारेर धरले. तीन वर्सांच्या काळात ही फेरीबोट फकत तीनूच म्हयने चल्ली. तातुंनुय मदी मदी मोडील्लया कारणान ह्या फेरीबोटीत प्रवास करापचे लोकांनी टाळ्ळे ,मागीर ती परत दुरुस्त करुन काय दिस ही फेरीबोट चलयली खरी , मात उपारांत ती तशीच उपयोगा विणे पडुन उरली.६वर्सांत राज्यातल्या वेगेवगळ्या फेरीबेटीच्या दुरुस्तीखातीर ३५ कोटी रुपया सराकरान खर्च केल्यात. ह्यो आदल्यो फेरीबेटो दुरुस्ती करच्या परस ताच्य बदला नव्यो फेरीबोटी सराकरान घेतल्यार त्यो फायद्याक आशिल्लयो अशे आलेमाव हांणी म्हणले .

ह्यावेळार अंतर्गत जलमार्ग मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी सध्या राज्यात ३२ फेरीबोटी आसात, ह्यो फेरीबोटी १८ - १८ वरा चलतात, ताका लागुन तांची दुरुस्ती करप गरजेचे आसता, ताका खर्च येताच, सध्या ज्यो फेरीबोट चलता त्यो १५- २० वर्सा पयली घेतिल्लयो अशी म्हायती दिली सोलर फेरीबोट दुरुस्त करपाक बेगीनुच कंत्राट काडटले. ताचे उपारांत ह्या फेरीबोटीचो उपेग करतले, अशी म्हायती ह्यावेळार फळदेसाय हांणी दिली.

रश्मी 85

अटल आसरा येवजणेत सुधारणा करुन ही येवजण सर्वसामान्याक उपलब्ध करुन दिवपाच्या फांटभुयेंर सराकार काम करतले समाज कल्याण खाते,ग्रामीण उदरगत खाते, तशेंच गृहनिर्माण म्हामंडळाक घेवन एक सुधारीत सुटसुटीत अशी अटल आसरा येवजण सरकार चालीक लायतले अशे आस्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हंणी सभाघरात दिले.

उत्तर गोयांतल्या कुजिरा शाळा संकुलाप्रमाण दक्षीण गोयांत सरकार संकुल उबारतले. हे खातीर मडगावा प्रायम जाग्यार सरकारान १ लाख चौखण मीटर सुवात घेतल्या. तीन म्हयन्याच्या काळा भितर मडगावंच्या पात्र शिक्षणिक संस्थांक सरकार प्लॉट दितले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सभाघराक दिल्या.

राश्ट्रीय शिक्षण धोरण चालीक लायल्या उपरांत शिकोवपाचे तास वाडल्यात, हाका लागुन विद्यात्र्यांचेर ताण येता, ताका लागुन सराकरान शिकोवनेचे तास उणे करचे अशी मागणी आमदार कार्लोस फरेरा हांणी केलीजाल्यार सध्याक शिकवणीचे तास फकत शिकोवपा खातीरच न्ही जाल्यार हेर शैक्षणिक बाबीखातीर लेगीत वापरताता अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान सबाघराक दिला.

महेश 25

हेर जील्याकडे जोडणी कशे तरेन जातली असो विचार करून तिसरया जिल्याचे हेड क्वार्टर आणि नाव किते दिवप ते सरकार ठरयतलो अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी खबराकराक सांगले

Byte - CM

रश्मी 140

गोंयांत बेकायदेशीर तरेन जे होम स्टे दिवपाचो वेवसाय सुरु जाला, ताचे आड पर्यटन खात्यान कडक कारवाय करची अशी मागणी आमदार मायकल लोबो हांणी शुन्य वराक केल्ली. अशा बेकायेदशीर होम स्टें खातीर कायदो आनी सुवेवस्था, सुरक्षिततायचे प्रस्न , तशेचं भौशिक साधन सुविधांचेंर ताण येता.

ताका लागुन होम स्टे  दिवपी कंपन्यांनी वा आस्थापनांनी तांची नोंदणी सरकाराकडे करची अशी मागणी मायकल लोबो हांणी केली.

रहिवासी इमारतीनी जर बेकायेशीर होम स्टे कोण दिता आसत जाल्यार संबंधित हावसिंग सोसायट्यांनी १३६४ ह्या नंबराचेर फोन करुन कागाळ करची ,ही कागाळ आयल्या उपरांत अशी बेकायदेशीरपणा करप्यांचेरं कडक कारवाय जातली अशे आस्वासन पर्यटन  मंत्री रोहन खंवटे हांणी दिल्या.  अशे होम स्टे चडशे करुन दिल्लीकार, तशेंच कोरोना काळात ज्या गोंयाभायल्या नागरीकांनी गोंयांत येवन 2nd home घेतल्यात ते दितात अशी म्हायती ह्यावेळार  खंवटे हांणी दिल्या. पर्यटन खाते अशा होम स्टेंचेर कडक कारवाय करतले अशी म्हायती ह्यावेळार  खंवटे हांणी दिली.

Weather – 30

गोय वेधशाळे प्रमाण फाटल्या २४ वरांत राज्यांत नैऋत्य मॉन्सून दुबल आशिल्लो.   गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 31 degrees celcius   आनी उण्यात उणे तापमान 26 degrees celcius इतले आसतले.

स्पोर्ट्स 30

महाराष्ट्राची 19 वर्सां पिरायेची दिव्या देशमूख हिणें बायलांची संवसारीक बुद्दीबळ सर्त जिखली. ही सर्त जिखपी ती भारताची पयली खेळगडी थारली. फायनलींत टायब्रेकरांत तिणें भारताचेच कोनेरू हम्पीक हारोवन वस्तादपण जोडलें.